# आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग दीस मनयलो

ता. 5 डिसेंबर 2024

राज्यांतल्या दिव्यांगांच्या सशक्तिकरणा खातीर केंद्र सरकारान हालीच गोंय राज्याखातीर सर्वसमावेशक प्रादेशीक केंद्राक मंजूरी दिल्ल्याचे जाहीर करून दिव्यांग सशक्तिकरण आनी समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय हांणी प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानले.

श्री. फळदेसाय आयज पर्वरी विशेश संजय स्कुलात आयोजीत आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग दीस कार्यक्रमात उलयताले.

सर्वसमावेशक प्रादेशीक केंद्रात दिव्यांगां खातीर वेगळे वेगळे अभ्यासक्रम, प्रशिक्षण सुविधा, कुशळटाय वाड आनी हेर सुविधा आसतल्यो अशें तांणी सांगलें. दिव्यांगांच्या कल्याणा खातीर राज्य सरकारान दिव्यांग सशक्तिकरण खात्याच्या माध्यमातल्यान अनेक येवजणो सुरू केल्ल्याचेय तांणी सांगलें. दिव्यांगांच्या कल्याणा खातीर बिगर सरकारी संस्थांकडल्यान राबोवपात येवपी उपक्रमांचीय श्री. फळदेसाय हांणी तोखणाय केली.

राज्य दिव्यांग आयोगाचे आयुक्त श्री. गुरूप्रसाद पावसकर हांणी राज्य सरकारान गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत दिव्याशय केंद्र सुरू केल्ले खातीर सरकारचे अभिनंदन करून ह्या केंद्रातल्यान दिव्यांगजनांक फुकट वैजकीय आनी हेर सुविधा मेळपाक मजत जातली अशें सांगलें.

दिव्यांग सशक्तिकरण खात्याच्यो संचालक श्रीमती वर्षा नाईक हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तुकीं नॅशनल पॅरा स्विमिंग सर्तीच्या पुस्तीकेचेय विमोचन जाले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/671

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.